**गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड वासिनां दिवपाक सुरवात**

ता. 13 ऑक्टोबर 2021

गोंय सरकाराच्या गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय जनावरां रोग नियंत्रण कार्यक्रमा खाला राज्यांत ता. 13 ऑक्टोबर 2021 सावन गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड वासिनां दिवपाच्या कार्यक्रमाक सुरवात केल्या आनी हो कार्यक्रम ता. 12 नोव्हेंबर 2021 मेरेन चलतलो.

ह्या कार्यक्रमाखाला सगळीं गोरवां आनी म्हशींक वासिनां दिवपाचो प्रयत्न आसतलो आनी जनावरांची रोगप्रतिकार शक्त तपासपा खातीर वासिनां दिवचे पयली आनी उपरांत सेरा सॅम्पल घेतले. वासिनां केल्ल्या सगळ्या जनावरांची वळख दवरपा खातीर तांच्या कानाक बिल्लो लावप आवश्यक आसा.

गोरवांक वासिनां दिवपाचो कार्यक्रम यशस्वी करपा खातीर नगरपालिका आनी ग्रामपंचायत मंडळांनी दूदकार शेतकारांक वासिनां दिवपाच्या कार्यक्रमाची म्हायती दिवची. तशेंच दूदकार शेतकारांनी वासिनां करपाक येवपी खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक सहकार्य करपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/855

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji